प्रादेशिक खबरो

24.06.2025 @ 7.20 pm

मुखेल खबरो

- गोंयात हरीतपुर्वक उर्जा निर्मिती करची म्हण  गोंय सरकारान सौरउर्जेक उर्बा दीवपाक महत्व दीला
- नामनेचे गायक अजित कडकडे हांका आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी कला आनी संस्कृती खात्याचो मानाचो गोमंन्त विभुशण पुरस्कार भेटयलो.
- फाल्या संविधान हत्या दिस पाळतले.
- गोंयभरात आयज  साजांवाची परब पळोवपाक  मेळ्ळी
- नीरज चोपडा आयज रातीं चेक रिपब्लीकांत जावपी प्रतिश्ठीत ओस्ट्रावा गोल्डन स्पायक 2025 एथलेटिक्स सर्तींत वांटो घेतलो
- हेर राज्या सयत कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्रत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा

रश्मि 120

गोंयात हरीतपुर्वक उर्जा निर्मिती करची म्हण गोंय सरकारान सौरउर्जेक उर्बा दीवपाक महत्व दीला. घरांचेर सोलर पॅनल बसोवपा खातीर सरकार 50 % सवलत दीता.जाल्यार ह्या येवजणेचो लाव घेंवन आजुन मेरेन राज्यात 31.73 टक्के उर्जा निर्मिती केल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्री कार्यालयातल्यान मेळ्ळया. 2025-206 मेरेन गोंयात 900 सौर उर्जेचो उपेग करपी पंप बसोवपाची मोख सरकारान दवरला. गोंयात ग्रीन revolution घडोवन हाडपाखातीर सौरउर्जा महत्वाची उर्जेचो स्तोत थारपाक शकता. फकत तंत्रगिन्याना वरवीं न्हय तर फुडल्या पिळगे खातीर स्वच्छ वारो, राज्यातल्या शेतकारांक बरी साधनां, आनी सगळ्यां खातीर पर्यावरण पुरक फुडार दिवपाच्या नदरेतल्यान सरकार काम करता अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. biogas,

solar heating, गांवगीऱ्या वाठारात सौरउर्जेतल्यान वीज निर्मीती करपाच्या हेतान सरकार सवलत दीवपी येवजण्यो राबयता.गोंयकारांनी ह्या येवजणेचो लाव घेवन पर्यावरणपुरक स्तोत्राचो उपेग करपाक प्राधान्य दीवचे अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला.

रश्मि 160

नामनेचे गायक अजित कडकडे हांका आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी कला आनी संस्कृती खात्याचो मानाचो गोमंन्त विभुशण पुरस्कार भेटयलो. गायकीच्या मळार तांच्या योगादनाखातीर अजित कडकडे हांका हो पुरस्कार फावो जाला. ही कार्यावळ पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दिनानाथ मंगेशकर सभाघरात जाली. पुरस्कार वितरण सुवाळ्यापयली अजित कडकडे हांच्या गायकीच्य प्रवासाचेर आधारीत फोटो प्रदर्शनाचे उक्तावण जाले. ते उपरांत अजित कडकडे हांचेविंशी म्हायती दिवपी खासा डोक्युमेंन्टरी ह्यावेळार दाखयली.

ह्या कार्यावळीक राज्यसभेचे खासदार, सदानंद शेट तानावडे,मंत्री सुभाश फळदेसाय,आमदार गोविंद गावडे,केदार नायक, संकल्प आमोणकार, कला आनी संस्कृती खात्याचे सचिव सुनील अंचिपका,तशेंच कला आनी संस्कृती खात्याचे संचलाक सगुण वेळीप हाजीर आशिल्ले.

गोंयच्या तरणाट्यांनी अजीत कडकडे हांच्या गायन कलेच्या खडतर प्रवासाची,तांच्या जीद्दीची, ,कलेच्या सेवेची नोंद घेंवची अशे ह्या वेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणले

अजीत कडकडे हांणी गोंयच्या नव्या गायकाची पीलगी घडोवची अशे ह्यावेळार मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी अजीत कडकडे हांचेकडे मागले

ह्या वेळार आपले मनोगत उक्तायताना अजीत कडकडे हांणी हो पुरस्कार आपले गुरू पंडीत जीतेंद्र अभिशेकी हांका,तशेंच संगीत शिकयील्ल्या प्रत्येक गूरूंक आनी संगीत रसीकांक सर्मपीत केला अशे म्हणले byte

संविधान 60

फाल्या संविधान हत्या दिस पाळतले. २५ जून १९७५ वर्सा भारतीय संविधान पाया मुळान मस्तील्ले तेन्ना किते घडले याची याद करून दिवपी हो दिस. भारतीय इतिहासातलो सगळ्यात काळ्या पावंड्यार आणीबाणीच्या अतिरेकांन पीडित जाल्या प्रत्येक व्यक्तीक श्रद्धांजली ओपपाचो हो दिस. १९७५ च्या आणीबाणीच्या अमानवी वेदना सहन करपी सगळ्याच्या प्रचंड योगदानाचे स्मरण करपाक हो दिस पाळतात. हे विशी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी सांगले byte pm emerg

रश्मि 70

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी आयज माशेल हांगाच्या सरकारी प्राथमिक शाळेची आकस्मीक भेट दिवन पळोवणी केली. ह्यावेळार नवी शाळा इमारत बांदपा खातीर जमनीचे संपादन स्थितीचो नियाळ मुखेलमंत्र्यान घेतलो., तशेंच सद्याच्या मुळाव्या साधनसुविधांचे स्थितीचें मुल्यांकन केलें. मध्यान्ह जेवणा वेळार विद्यार्थ्यां कडेन तशेंच शिक्षकांकडे मुखेलमंत्र्यान संवाद सादलो.मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार विद्यार्थ्यांवांगडा बसुन इडली सांबर खालो. दरेका भुरग्याक दर्जेदार शिक्षण मेळचें हे खातीर राज्यभरांतल्या सरकारी शाळांची मुळावी बांदावळ घटमूट करपाक आनी सुदारपाक गोंय सरकार वचनबद्ध आसा अशें ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हणले.

रश्मि 120

गोंयभरात आयज साजांवाची परब पळोवपाक मेळ्ळी. ख्रिस्ती भाव भयणी  ही परब संत जॉन बेपटीस्ट हांच्य जल्मदिसाच्या उगडासान मनयतात. संत बेपटीस्टची आवय एलिझाबॅथ गुरवार आसतना तीका जेजुची आवय मेरी मेळपाक आयिल्लि. त्यावेळार मॅरी लेगीत गुरुवार आशिल्ली. गर्भात आशिल्लया जेजुविशी कळतकच संत जोन बेपटीस्टान उमेदिन पोटांत उडी मारली.ताका लागुनुच सांजवाच्या दिसा ही उमेदिची उडी म्हण बांय, न्हय, तळ्यानी उडी मारपाची साजंवाची प्रथा आसा.

गोंयात शिवोलेचो सांजव फामाद .दर वर्सा प्रमाण अंदु लेगीत साजांवाच्या फांटभुयेर शिवोले st . anthony church सामकाराच्या न्हंयत सांजावाच्या निमतान साजांवाची बोटींची सर्त जाता. हे शिवाय कपेल करप,तशेच हेर सर्तीचे आयोजन गोंय पर्यटन खाते,शिवोले सांजाव बोट समितिच्या जोडपालवान दरवर्सा आयोजित करता. ह्या वेळार पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे, शिवोलची आमदार डीलायला लोबो, कळंगुटचे आमदार मायकल लोबो,तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

सुशांत 60

साश्टीं तालुक्यात आयज सांज्यावाची परब व्हडा उमेदीन आनी पारंपारिक पद्धतीन मनयली. देवसा-चिंचोणे हांगा ह्या निमतान लोकांनी पोनेळांतल्यान मिरवणूक काडली. ह्या उत्सवांत गांवांतल्या ल्हान भुरग्यांनी तसेच व्हडांनी वांटो घेतिल्लो. ह्या उत्सवा खातीर तयार केल्ल्या पातोळ्यो आनी हेर पारंपारीक खाणां-जेवणांचोय लोकांनी आस्वाद घेतलो.

Rajesh 20

दिवचल तालुक्यात  सांजाव उत्सव विंगड विंगड कार्यावळीनी वडा उमेदीन मनयलो . हे निमतान दिवचल, मुळगाव साखळी, मया सांजवाच्या निमतान तरेकवार कार्यावळी आयोजित केल्यात.

सर्व्हेक्षण 50

राज्यातल्या इतिहासीक हस्तलिखितांचें सर्व्हेक्षण 1 जुलय सावन सुरू जातलें. इतिहासीक हस्तलिखितांचे जतनाये खातीर सरकारान अर्थसंकल्पांत तजवीज केल्या. हाचे खातीर पयल्या पांवड्यार सर्वेक्षण जातलें, अशी म्हायती पुराभिलेख आनी पुरातत्व खात्याचे संचालक बालाजी शेणवी हांणी दिली.हस्तलिखितांचे डिजिटायजेशन करपाची येवजण आसा. ज्या संस्थां कडेन वा मनशां कडेन हस्तलिखितां आसात, तांचे कडेन संपर्क सादून म्हायती घेतले.

EPFO 70

आगाऊ दाव्या खातीर ऑटो सेटलमेंट मर्यादा एक लाख रुपया वयल्यान पांच लाख रुपया मेरेन वाडोवपाचो निर्णय भविष्य निर्वाह निधी संघटना ईपीएफओन घेतला. ही रक्कम 72 वरां भितर जलद गतीन लावार्थ्यांक दितले. केंद्रीय कामगार आनी रोजगार मंत्री मनसुख मांडाविया हांणी आयज सोशल मिडियाचेर पोस्ट करून ही म्हायती दिल्या. हाका लोक केंद्रीत पावल अशें म्हणत मांडविया हांणी सांगलें की, 2023-24 वर्सा 89 लाखां परस चड दावे निवळायले, जाल्यार फाटल्या अर्थीक वर्सांत दोन कोटी ३२ लाख ऑटो-सेटलमेंट जाले.

Neeraj 30

सध्याचो भालोफेक संवसारीक विजेतो नीरज चोपडा आयज रातीं चेक रिपब्लीकांत जावपी प्रतिश्ठीत ओस्ट्रावा गोल्डन स्पायक 2025 एथलेटिक्स सर्तीत परतून एक फावट वांटो घेतलो. खेळ भारतीय वेळे प्रमाण रातच्या साडे धाक सुरू जातलो.

हवामान 50

भारतिय हवामान खात्यान फाल्यां सावन वायव्य भारतांतल्या काय सुवातींनी व्हड ते सामको दडकांनी पावस आनी वाडपी पावसाचो अदमास काडला. हेर राज्या सयत कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्रत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा.

वारे वराक 30 ते 40 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 50 किलोमीटर इतलो वाडू येता देखून नुसते मारानी खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला